Panaji National 4th June 2026 8.40am

- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आज नवी दिल्लींत व्हेनेझुएलाच्यो कार्यवाहक राष्ट्राध्यक्ष डेल्सी रॉड्रिग्ज हांच्या वांगडा चर्चा करतले.
- भारतीय विमान कंपन्यांक आदार दिवपा खातीर केंद्रीय मंत्रीमंडळान धा हजार कोटी रुपयांच्या 'ATF दर स्थिरीकरण निधीक मान्यताय दिल्या.
- केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाह त्रिपुराच्या दोन दिसांच्या भौंवडेर आज सांजेच्या वेळार अगरतला पावतले.
- भारतीय हवामान खात्यान आज केरळ आनी माहेत दाट उटनगराची शिटकावणी दिल्या.
- पयली संवसारीक योगासन खेळ चॅम्पियनशीप आज गुजरातच्या अहमदाबाद शारांत सुरू जातली.

PM Venezuela –

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आज नवें दिल्लींत व्हेनेझुएलाच्यो कार्यवाहक राष्ट्राध्यक्ष डेल्सी रॉड्रिग्ज हांच्या वांगडा चर्चा करतले. रॉड्रिग्ज भारताच्या पांच दिसांच्या भौंवडेर काल नवी दिल्लींत पावल्यो. तांच्या बरोबर आयिल्ल्या शिश्टमंडळांत पररश्ट्र व्यवहार, अर्थशास्त्र आनी वित्त, विज्ञान आनी तंत्रज्ञान, दळणवळण आनी म्हायती, तशेंच येरादारी मंत्र्यांचो आस्पाव आसा. रॉड्रिग्ज हाणी हाचे पयलीं २०१५ वर्सा पररश्ट्र मंत्री म्हूण, आनी २०१९, २०२३, २०२४, आनी २०२५ वर्सा उप-राष्ट्राध्यक्ष म्हूण भारताक भेट दिल्ली. व्हॅनेझुएलाचें शिश्टमंडळ भारताच्या उर्जा, वखदां, आनी मोटारींच्या क्षेत्रां कडेन संबंदीत आशिल्ल्या जायत्या आस्थापनांक भेट दितलें. भारताची तंत्रीक आनी उद्देगीक क्षमताय समजून घेवप आनी सहकार्याचे नवे मार्ग सोदून काडप हो हेतू आसा.

Cabinet –
केंद्रीय मंत्रिमंडळान भारतीय विमान कंपन्यांक तांच्या देशांतर्गत आणि आंतरराष्ट्रीय उड्डाणांखातीर एटीएफ (ATF) दर स्थिर दवरपाक मदत करपाखातीर तेल विपणन कंपन्यांक धा हजार कोटी रुपयांच्या एक-वेळच्या अर्थसंकल्पीय मदतीक मंजुरी दिली. अस्तंत आशियांतल्या संकश्टाक लागून इंधनाच्या दरांत सध्या सुरू आशिल्ल्या चढ उतारांच्या परिस्थितीत, विमान कंपन्यां खातीर स्थिर एटीएफ दर सुनिश्चित करपाच्या उद्देशान कंपनींक हो आदार दितले. काल नवी दिल्लींत प्रसार माध्यमांक म्हायती दितना म्हायती आनी प्रसारण मंत्री अश्विनी वैष्णव हांणी सांगलें …Byte 21
तशेंच दिल्ली-एनसीआर वाठारांतले पोरने ट्रक आनी बशी बदलपा खातीर राष्ट्रीय राजधानी क्षेत्र नियोजन मंडळाक (NCRPB) आदार दिवपी येवजनेकूय मंजुरी दिल्या. आर्थिक विशयांचे कॅबिनेट समितीन ओडिशातल्या रामेश्वर ते पारादीप मेरेनच्या १६३ किलोमीटर परस चड लांबायेच्या नव्या दर्यादेगेवल्या महामार्गाच्या बांदकामाकूय मंजुरी दिल्या. आर्थिक विशयांचे कॅबिनेट समितीन बिहार वाठारांतल्या NH-31 आनी NH-231 च्या खगरिया-पुर्णिया विभागाचें चार पदरी रस्त्यांत रुपांतर करपाकूय मंजुरी दिल्या, जाका तीन हजार ९३६ कोटी रुपयां परस चड खर्च येतलो.

Shah –
केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाह त्रिपुराच्या दोन दिसांच्या भोंवडेर आज सांजेच्या वेळार अगरतला पावतले. ताचे भेटी आदीं, सुरक्षा यंत्रणांनी काल सर्किट हाऊस ते शालबागान मेरेन ट्रायल रन घेतली. शुक्रारा कांय रस्त्यांचेर येरादारीचेर निर्बंध घालूंक शकतात अशें पुलिसांनी सांगलें. आपल्या ह्या भेटी वेळार, शाह पुष्पबंता पॅलेस हॉटेलाच्या बुन्यादी फातर घालपाच्या सुवाळ्याक हाजीर रावतले, लंकामुरा हांगासल्ल्या सीमा सुरक्षा दलाच्या (BSF) शिमेवल्या चौकीक भेट दितले, आनी राज्य तशेंच केंद्रीय सुरक्षा अधिकाऱ्यां वांगडा एका उंचेल्या पांवड्यावेली बसका घेतले. शाह यांच्या भेटी संबंदी राज्य सरकारान एका उंचेल्या पावड्यार प्रशासकीय आनी सुरक्षा बसकेचेंय आयोजन केलां.

Puri –

भारताची फुडाराची मोबिलिटी इकोसिस्टम एकाच तंत्रगिन्यानाचेर आदारून आसची ना अशें पेट्रोलियम आनी सैमीक वायू मंत्री हरदीप सिंग पुरी हांणी सांगलें. पुरी हांणी सांगलें, हे वेवस्थेंत भारताच्या वास्तवतेक अनुकूल जातले अशा पद्धतीन ईव्ही (EVs), जैव इंधन, हायड्रोजन आनी नविनीकरणीय ऊर्जेचो आस्पाव आसतलो. नवी दिल्लींत Hero Motocorpच्या पयल्या फ्लेक्स फ्युएल मोटरसायकलीच्या launch वेळार ते उलयतले.

Gujarat –

राज्यांत बेकायदेशीर रितीन रावपी बांगलादेशी नागरिकांचेर गुजरात पुलिसांनी खर कारवाय सुरू केल्या. ऑपरेशन डेल्टा हंट खाला गुजरातांत बेकायदेशीर रितीन रावपी 362 बांगलादेशी नागरिकांक अटक केल्या, जाल्यार सध्या 782 परस चड दुबावीत व्यक्तीं विशीं चवकशी सुरू आसात.

Maha MLC –

महाराष्ट्र भाजपचे प्रदेशाध्यक्ष Ravindra Chavan हांणी ह्या म्हयन्याच्या १८ तारखेर जावपा आशिल्ल्या महाराष्ट्र विधान परिषद वेचणुके खातीर महायुतीच्या १७ अधिकृत उमेदवारांची वळेरी जाहीर केल्या. मुंबयंत जाल्ले एका संयुक्त पत्रकार परिशदेंत उलयतना, भाजपा, शिवसेना आनी राष्ट्रवादी काँग्रेस (एनसीपी) या आघाडीचे सगळे १७ उमेदवार वेंचून येतले, असो विस्वास चव्हाण हांणी उक्तायलो. मुख्यमंत्री देवेंद्र फडणवीस, उपमुख्यमंत्री एकनाथ शिंदे आनी राष्ट्रवादी काँग्रेसच्यो फुडारी सुनेत्रा पवार हांच्या मदीं जाल्ल्या चर्चे उपरांत सुवातो वांटपाचो निर्णय निमाणो केलो, अशे चव्हाण हांणी सांगलें.

Goyal –

केंद्रीय वाणिज्य आनी उद्देग मंत्री पीयूष गोयल हांणी काल नवी दिल्लींत राष्ट्रीय वेपारी कल्याण मंडळाचे अध्यक्ष सुनील सिंघी हांची भेट घेतली.

वेपाऱ्यांचे हित आनीक घटमूट करप, डिजिटल संदी वाडोवप, ईझ ऑफ डुइंग बिझनेस' चो वेग वाडोवप, ह्या विशयांचेर सविस्तर चर्चा जाली अशें गोयल हाणी सोशल मिडिया पोस्टांत सांगलें.

IMD –
भारतीय हवामान खात्यान केरळ आनी माहेत आयज घोग्यांनी पावस पडपाचो orange अलर्ट दिला. तशेंच उत्तराखंड, ईशान्य भारताचे कांय भाग, अस्तंत बंगाल, कर्नाटक, कोंकण, गोंय, तमिळनाडू, पुडुचेरी, कराईकल, अंडमान आनी निकोबार जुंवे आनी लक्षद्वीपात उटनगराच्या पावसाची शक्यताय आसा. उदेंत राजस्थान, हिमाचल प्रदेश, मध्य प्रदेश, जम्मू-काश्मीर-लद्दाख-गिलगीत-बाल्तिस्तान-मुझफ्फराबाद हांगा आयज कऱ्यांच्या पावसा वांगडा गडगड मारपाचो अदमास हवामान खात्यान उक्तायला. मजगतीं, दिल्ली, चंडीगढ, हरियाणा, पंजाब, मध्य प्रदेश, राजस्थान, कर्नाटक, तेलंगणा आनी विदर्भात गडगड मारपाची शक्यताय आसा.

Yoga –
पयली संवसारीक योगासन खेळ चॅम्पियनशीप आज गुजरातच्या अहमदाबाद शारांत सुरू जातली. ५ दिसांच्या ह्या सर्तींत अमेरिका, जपान, नेदरलॅंड्स, ओमान, मॉरिशस, युगांडा, झांबिया, श्रीलंका, नेपाळ आनी केनिया संयत ७० परस चड देशांतले ५०० परस चड खेळाडू वांटो घेतले. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज सांजवेळा सुमार 6:40 व्हिडियो कॉन्फरन्सिंग वरवीं ह्या कार्यावळींत वांटो घेतले.

SAFF –
उपांत्य फेरयेंत भूतानाचो 1-0 असो पराभव करून भारतान सैफ फुटबॉल बायलां चॅम्पियनशिपांत फायनलींत पावलां. काल गोंयच्या मडगाव शारांत भारतीय बायलांचो फुटबॉल पंगड स वर्सां उपरांत सॅफ चॅम्पियनशिपाच्या फायनलींत पावलो.
पांच फावटीं जैतिवंत जाल्लो भारत शेनवारा फायनलींत डिफेंडिंग चॅम्पियन बांगलादेशा कडेन खेळटलो.

Waves –
प्रसार भारतीचा डिजिटल स्ट्रीमिंग प्लॅटफॉर्म वेव्हज ओटीटीन नोव्हेंबर 2024 वर्सा सुरू जाले उपरांत दोन वर्सां भितर 1 कोटी  नोंदणीकृत वापरकर्त्यांचो ऐतिहासिक ट्प्पो ओलांडलो.
हे यश भारताच्या सार्वजनिक डिजिटल मीडिया परिसंस्थेच्या विकासातलो एक म्हत्वाचो पावडो आसा आणि भारत तसेच जगभरातल्या प्रेक्षकांक विश्वासार्ह, सर्वसमावेशक आणि वैविध्यपूर्ण आशय दिवपी स्वदेशी डिजिटल प्लॅटफॉर्मचो वाढतो स्वीकार दाखयता. आज, ह्या प्लॅटफॉर्माचेर 24,000 परस चड सामुग्री शीर्षकां, 15,000 वरां परस चड कार्यावळी, 140 लायव्ह टीव्ही चॅनल आनी 200 परस चड रेडिओ सेवा आसात.

सूर संगम -
आकाशवाणी पणजी केंद्रा वरवी मेकनिझ प्यालेसच्या सभाघारांत 5 जुनाक सांज्ये4.३० वारांच्येर सूरसंगम हि संगीत आनी पारंपारिक नृत्याची कार्यावळ आयोजित केल्या. ह्या कार्यावलीन हिंदुस्थानी शास्त्रीय गायक डॉ. प्रवीण गावकर आपली कला सदर करतले.माशेलच्या छत्रपती कला आनी सांस्कृतीक मांडला वरवी फुगडी सादर जातली. राया सासष्टी हागच्या एड्रियन सिक्वेरा आनी संगात्यांची कातारांची कार्यावळ जातली. रसिकांनी कार्यावलीचो आनंद घेवचो अश्ये आकाशवाणीन कळीत केला...